14th Sept 2025 सकाळी - 8.40

नमस्कार, आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं, मनाली प्रभुगावकर तुमका ह्यो राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसामांत 18 हजार 530 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा आनी उद्देगीक उदरगतीच्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

- प्रधानमंत्र्यांनी पूर्वोत्तर राज्या, मणिपूर आनी मिझोरामात काल, 17 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांची काल बुन्याद घाली. मणिपूरात आशा आनी विश्वासाचे वातावरण आसा, अशे प्रधानमंत्र्यांनी म्हळां.

- आयज देशभर हिंदी दिस मनयतात. घरमंत्री अमित शाह आयज, गुजरातांतल्या गांधीनगरांत पांचव्या अखिल भारतीय राजभाषा सम्मेलनाचें उक्तावण करतले.

- हॉकींत आयज सांजे, हँगझू हांगा जावपी, बायलांच्या आशिया करंड सर्तींत, भारत, यजमान चीना आड खेळटलो.

PM Assam - 200

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसामांत 18 हजार 530 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा आनी उद्देगीक उदरगतीच्या प्रकल्पांचें उक्तावण करून बुन्यादि फातर बसयतले. पयली कार्यावळ Darrangगांत जातली, थंय प्रधानमंत्री मोदी वेगवेगळ्या प्रकल्पांची बुन्याद घालतले. ह्या प्रकल्पांत दर्रांग मेडिकल कॉलेज आनी हॉस्पिटल आनी जीएनएम शाळा आनी नर्सिंग कॉलेज, ह्या वाठारांत वैजकी शिक्षण आनी भलायकी सेवा घटमूट करपी प्रकल्पांचो आस्पाव आसा. शारांतली येरादारीची गर्दी उणी करपाक तशेच राजधानी शारांत आनी ताचे भोंवतणी जोडणी सुदारपाखातीर गुवाहाटी रिंग रोड प्रकल्पाची बुन्याद घालतले. ते भायर, ब्रह्मपुत्रा न्हंयचेर कुरुवा-नरेंगी पुलाची

बुन्यादि फातर घालून, जोडणी सुदारतले आनी वाठारांत समाजीक-आर्थीक उदरगतीक चालना दितले. ते उपरांत नितळ उर्जा वाडोवपाचो आनी जीवाश्म इंधनाचेर आदारून रावप, उणे करपाचो हेत आशिल्ल्या गोलाघाटा हांगाच्या, नुमाली-गढ शुध्दीकरण प्रकल्पांत, आसाम बायो-इथेनॉल प्रायव्हेट लिमिटेडाचें उक्तावण प्रधानमंत्री करतले. तशेंच नुमाली-गढ़ रिफायनरी लिमिटेड हांगाच्या पॉली-प्रोपायलीन प्लांटाची बुन्याद घालतले. हाकालागून रोजगाराची संद निर्माण जातली आनी ह्या वाठाराची एकंदर समाजीक अर्थीक उदरगत जातली.

पीएम मणिपूर - 160

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, मणिपूरांतल्या लोकांक आपलीं सपनां पुराय करपाक आनी तरणाट्यांचे प्रगती आनी कल्याणा खातीर, शांततायेचो मार्ग आपणावपाचो उलो मारलो.

प्रधानमंत्र्यांनी चुरा-चंदपूर जिल्ह्यांतल्या शांतताय मैदानाचेर, 17 हजार 300 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या 14 उदरगत प्रकल्पांची बुन्याद घाली.

केंद्र सरकार मणिपूर सरकाराक राज्यांतल्या उदरगत आनी शांतताये खातीर पुराय आदार दितलें, अशें आश्वासन प्रधानमंत्र्यांनी दिलें. ताचे पयली प्रधानमंत्री मोदी हांणी आभासी माध्यमातल्यान, मिझोरामांतल्या आयझोलांत 9 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसोवन, काय प्रकल्पांचे उक्तावण केलें. हे प्रकल्प रेल्वे, रस्ते, उर्जा, खेळ हाचेसयत कितलेशाच क्षेत्रांक मजत करतले. भारत ही संवसारांतली सगळ्यांत नेटान वाडपी मुखेल अर्थवेवस्था आसून, ईशान्येतली राज्यां, देशाचे उदरगतीचें इंजिन जावपाक लागल्यात, अशें ताणी स्पश्ट केलें. नव्या बैराबी-सैरांग रेल्वे प्रकल्पाचें उक्तावण करतना, प्रधानमंत्रांनी सांगले.

Hindi Diwas - 110

आयज देशभर हिंदी दिस मनयतात. १९४९ वर्सा ह्याच दिसा, संविधानसभेन देवनागरी लिपींत बरयल्ली हिंदी, ही देशाची राजभास म्हूण आपणायली. ह्या निमतान केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज, गुजरातांतल्या गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत, पांचव्या अखिल भारतीय राजभाषा सम्मेलनाचें उक्तावण करतले. गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हे ह्या वेळार हाजीर आसतले. दोन दिसांच्या ह्या सम्मेलनांत, केंद्र सरकाराच्या वेगवेगळ्या खात्यांतले 7 हजारां परस चड अधिकारी वांटो घेतले. ह्या सम्मेलना वेळार ऑपरेशन सिंदूराचेर खाशेलें सत्र सयत, वेगवेगळी सत्रा जातली. राजभास खात्याचे सचीव अंशुली आर्य हांणी सांगलें, कि हिंदी आनी हेर भारतीय भाशांमदीं एकचार आनी एकात्मता वाडोवप, हो ह्या दोन दिसांच्या सम्मेलनाचो हेत आसा. भारती नांवाचें बहुभाषी अणकार साधना सयत, जायते उपक्रम ह्या सम्मेलनांत सुरू करतले, अशेंय तिणें सांगलें.

Sanjai Jaju - 70

म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाचे सचीव संजय जाजू हांणी, प्रादेशिक आनी थळावी सामुग्री आनी येणावळ मेळोवपाच्या हेतान, दूरदर्शन आनी आकाशवाणी केंद्रांकडेन थळाव्या कलाकारांक आनी सामुग्री निर्मात्यांक, संलग्न करपाचेर भर दिलो. काल आकाशवाणी लखनौ कार्यालयांत, मंत्रालयाच्या वेगवेगळ्या माध्यम युनिटांच्या वावराचो नियाळ घेतना जाजू हांणी सांगलें, की म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाचे युनिट, सरकाराची मुखामळ आसा, कारण ते फकत सामान्य नागरिकाकडेन जोडना तर देशांतल्या पयसुल्ल्या वाठारांनी लेगीत पावता.

मनसुख मांडवीय - 60

विकसीत भारत युवा संवाद फुडारी, हे तरणाट्यांच्या फुडारपणाखाला लोकशायेची खरी देख आसा, अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या विकसीत भारत युवा संवाद 2026 वेळार मंत्री मांडवीय उलयताले.

विकसीत भारताचें सपन पुराय करपा हेतान, तरणाट्यांची प्रतिभा आनी तांकीचो उपेग करपा खातीर हो मंच तयार केला, अशेंय ताणी सांगलें.

GST - 80

स्वातंत्र्य दिसा लाल किल्ल्यावेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी next generation जीएसटी सुदारणांची घोशणा केली. हया म्हयन्याचे 3 तारखेक, जीएसटी काउन्सिलान कितल्याशाच क्षेत्रांत, कर दर उणे करून, नागरिकांचें जिवीत सोंपें करपा खातीरचे सपन पुराय केलें. हया जीएसटी सुदारणांक लागून, सरकारान गरजेच्या खाद्यपदार्थांचेर आनी स्थिर उत्पादनांचेर कर उणो करून, नागरिकांक व्हड थाकाय दिल्या. सरकारान पयलींच्या 12 टक्के आनी 18 टक्के स्लॅबांतल्यान, कर दर 5 टक्के आनी शून्य केला. चीज, बिस्किट, चॉकलेटी सयत, उत्पादनां, 5 टक्के जीएसटी खाला हाडल्यात.

हॉकीं - 40

हॉकींत आयज सांजवेळा, हँगझू हांगा जावपी बायलांच्या आशिया करंड सर्तींत, भारत, यजमान चीना आड खेळटलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण सांजे 5.30

वरांचेर ही मॅच सुरू जातली. काल सुपर 4 स्टेज मॅचींत, भारतान डिफेंडिंग चॅम्पियन जपान आड, 1 आड 1 अशी रोमांचक बरोबरी केली.

Cricket Mens - 80

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज सांजे, दुबयंत जावपी टी-20 आशिया करंड सर्तींत, भारत पाकिस्ताना आड खेळ जातलो . हि मॅच रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातली. अंदूं फेब्रुवारी उपरांत पयलेच खेपे, हे दोनूय पंगड खेळतले. युएई आनी ओमान हांचे आड मेळिल्ल्या व्हड जैताच्या फाटभुंयेर, हे दोनूय पंगड सर्तींत वांटो घेतात.

Cricket Women - 30

बायलांच्या क्रिकेटांत, आयज न्यू चंडीगढांत जावपी म्हत्वाच्या तीन मॅचींच्या मालिकेच्या, पयल्या एका दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय मॅचींत, यजमान भारत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. दनपारां 1:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

आयएमडी हवामान -

भातीय हवामान खात्यान आयज बिहार, हिमालय, अस्तंत बंगाल, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, गोंय, आनी सिक्किम हांचेर एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, छत्तीसगड, आंध्र प्रदेशात व्हड पावस पडपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसामांत 18 हजार 530 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा आनी उद्देगीक उदरगतीच्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

- प्रधानमंत्र्यांनी पूर्वोत्तर राज्या, मणिपूर आनी मिझोरामात काल, 17 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांची काल बुन्याद घाली. मणिपूरात आशा आनी विश्वासाचे वातावरण आसा, अशे प्रधानमंत्र्यांनी म्हळां.

- आयज देशभर हिंदी दिस मनयतात. घरमंत्री अमित शाह आयज, गुजरातांतल्या गांधीनगरांत पांचव्या अखिल भारतीय राजभाषा सम्मेलनाचें उक्तावण करतले.

- हॉकींत आयज सांजे, हँगझू हांगा जावपी, बायलांच्या आशिया करंड सर्तींत, भारत, यजमान चीना आड खेळटलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार